# स्वातंत्र्य दिसानिमतान  राजभवनार येवकार सुवाळो जालो

ता. 15  ऑगस्ट  2024

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी 78 व्या भारतीय स्वातंत्र्य दिसानिमतान  राजभवनार येवकार सुवाळो आयोजीत केल्लो. सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, श्रीमती सुलक्षणा सावंत, राज्यपालांची घरकांत्र श्रीमती रिता श्रीधरन पिल्लई, वीज मंत्री श्री. रामकृष्ण ढवळीकर, कायदो आनी पर्यावरण मंत्री श्री. आलेक्स सिक्वेरा, राज्यसभा खासदार श्री. सदानंद तानावडे, आमदार कार्लुस फेरेरा, श्रीमती देविया राणे, आदले खासदार फ्रांसिस सार्दिन , आदले राज्यसभा खासदार लुईजीन फालेरो, मुख्य सचीव श्री. पुनित कुमार गोयल, राज्यपालाचे सचीव एम. आर. एम. राव, जिल्हाधिकारी श्रीमती स्नेहा गीते, श्री. अश्विन चंद्रु, गोंय विद्यापीठाचे कुलगूरू हरिलाल मेनन, राज्यपालाचे अतिरिक्त सचीव  संजीव गांवस देसाय आनी हेर अधिकारी हाजिर आशिल्ले.

मजगती, स्वातंत्र्य दिसाच्या शुभ प्रसंगार  सकाळी राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी राजभवनार राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो. राजभवन कार्यालयाचे अधिकारी आनी कर्मचारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वर्सा राजभवनान वायनाडच्या पिडेस्तांक मदत करपा खातीर 6  लाख रूपया केरळच्या मुख्यमंत्री मदत निधीक दिवपाचो निर्णय घेतला.

म्हा /सप/     / विगां/ 2024/415

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.